**गोंयचो नुस्त्या वेवसाय निल-अर्थवेवस्थेक भरपूर योगदान दिवपाक शकता- हळर्णकर**

ता. 10 जुलय 2025

नुस्तेमारी वेवसायांत वाड करून गोंय देशाच्या निल-अर्थवेवस्थेक व्हड योगदान दिवपाक शकता, अशें नुस्तेमारी मंत्री श्री. नीळकंठ हळर्णकर हांणी आयज नुस्तेमारी संचालनालयान कुडतरी हांगा आयोजीत राष्ट्रीय मत्स्य शेतकार दीस कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

गोंय हे सागरी संवर्धन धोरण लागू करपी पयले राज्य आसून शाश्वत मत्स्य पैदास वेवसाया वरवीं नुस्त्याचे उत्पादन वाडोवप हो ह्या धोरणाचो उद्देश आसा. गोंयच्या नुस्तेमारी समाजा खातीर नुस्तेमारी हो न्हय फकत एक वेवसाय, जाल्यार तो गोंयची परंपरा आनी संस्कृती कडेन घट्ट जोडिल्लो वेवसाय आसा, अशें श्री. हळर्णकर हांणी सांगलें.

राष्ट्रीय मत्स्यपालन दिसानिमतान डॉ. हिरालाल चौधरी आनी डॉ. के.एच. अलिकुन्ही हांच्या इतिहासिक कार्याचो उगडास करपात येता. तांणी 1957 त भारतीय कार्प नुस्त्याचे यशस्वी तरेन प्रजनन केले, जाका लागून देशात नुस्ते पोसपाच्या वेवसायांत क्रांती घडली. हेया दूरदर्शी संशोधनाक लागून गोंयातय मत्स्यपालन वेवसायाक चालना मेळ्ळी आनी राज्यातल्या मत्स्य उत्पादनात वाड जाली. गोंय राज्यांत प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा येवजणेची यशस्वी अंमलबजावणी करपाक सरकारचे प्रयत्न चालू आसात, अशेंय तांणी सांगलें.

कुडतरीचे आमदार श्री. आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हांणी नुस्तेमारी समाजाक नुस्तेमारी वेवसाय वाडोपाचो तशेंच खाजन शेतांनी लागवड करपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी पारंपरीक नुस्तेमारी आनी मत्स्यपालन करपी नुस्तेमारी समाजाची तोखणाय केली.

नुस्तेमारी वेवसाय सचीव श्री. प्रसन्ना आचार्य हांणी देशाच्या निलक्रांतीक योगदान दिवपा खातीर गोंय सरकार कटीबद्द आशिल्ल्याचे सांगलें.

नुस्तेमारी वेवसाय खात्याच्यो संचालक डॉ. शमिला मोन्तेरो हांणी खात्याच्या येवजणांची म्हायती दिली.

ह्या वेळार प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा येवजणेच्या लाभार्थ्यांक मंजुरी पत्रां भेटयली. तशेंत कासयांच्या पिलांक सैमिक अधिवासात योग्य आनी सुरक्षित तरेन सोडपाक योगदान दिल्ले खातीर नुस्तेमारी भावांचो सत्कार केलो.

कुडतरीचे सरपंच श्री. ज्योकिम इस्तिबेरो, खात्याच्यो उपसंचालक डॉ. स्मिता मजुमदार, उपसंचालक श्री. चंद्रकांत वेळाप आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

श्रीमती वर्षा मळीक चंदगडकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/600

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.